PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S
VIDYA PRABODHINI COLLEGE OF COMMERCE, EDUCATION,
COMPUTER AND MANAGEMENT, VIDYANAGAR, PARVARI, GOA.

**S.Y.B.A.B.Ed. SEMESTER END EXAMINATION**

**APRIL/MAY-JUNE 2018-19(REGULAR/REPEAT )**

**SUBJECT: ALLIED TO MAJOR (ENGLISH) INTRODUCTION TO TRANSLATION**

**SEMESTER:** IV **DURATION: 2 hours** **MAX. MARKS: 70**

**Instructions:** **i.** All questions are compulsory.
**ii.** Figures to the right indicate marks allotted to the respective question.

Q.1. Translate the following extract of a short story into English: **(25 marks)**

शारदेगेर दोन चल्यां फाटल्यान बर्याच उसरां ज्योती जाल्ले. घरांत सगळ्यांत ल्हान जाल्ल्यान सगळ्यांचे अपुरबायेन वाडिल्लें. भावाक तर तें खेळणेंच कशें जाल्लें. ज्योती दिसूंक सादारणशें आसलें. ताचे गूण मात तोखणाय करिसारकेच आसले.

जाण्टो बापूय दोन-दोन दिसांनी बरो ना जातालो. आवयक दीसरात घरांतलो रगाडो उसपुचो पडटालो. थंयूय आवयक आदार करून ज्योती बापायची सगळी सेवा करतालें. भावांकय जायतो आदार करतालें.

बापायच्या दुयेंसाक ताणेंच जमयिल्ली पुंजी काबार करची पडटाली. विजय आनी चंदू शिकूंक व्हडलेशे हुशार नासले. विजयान इंटर करून कॉलेज सोडिल्ली आनी बापायच्या ऑफिसांत क्लार्क जाल्लो. चंदून बी.ए. केल्ले आनी हाच्या ताच्या पांया पडून म्युनसिपाल्टींत नोकरी मेळयिल्ली. दोगय जाण जोडिल्ली जोड घरांत दिनासताना चैनींत वगडायताले. चंदूक चल्यांकय फिरोवपाची आवड आसली.

हांतरूणार पडिल्ल्या बापायक जाण्टेपणांत जाल्ले धुवेच्या शिक्षणाची, लग्नाची चिंता खाताली...हावें पै पैसो करून, पोटाक चिमटो घेवन जमयिल्ले पयशेय म्हज्याच वखदां पासत काबार करचे पडटात...म्हजे अपुरबायेचे धुवेचें जातलें कशें? हे दोगय पूत म्हळ्यार ...तांका भयणीचें, आवयबापायचें कांयच पडूंक ना...दुयेंसा परस ही चिंता ताचें काळीज पोखरताली.

घरांतले किटकिटीचो परिणाम ल्हानपणांतल्यान ज्योतीचेर जाल्लो. ताच्या लिकलिकीत दोळ्यांत सदांच दुख्खाची सया आसताली. ताच्यो इशिटणी जायते फावट घरांतल्यो गजाली, विनोद सांगून हांसताली...

P.T.O

Q.2. Translate the following scenes of a play into English: **(25 marks)**

(एका सर्वसादारण बिराडाचो हॉल. मदलशीक मुखेल दार. दोनूय वटेन दोन जनेलां. हॉलाच्या दोन हातांक दोन दारां. प्रेक्षकांचें उजवे वटेनचें दार हें किचनांत वचपाचें जाल्यार, दावे वटेन न्हिदपाचे कुडीचें दार. मदी बसपाची सुवात. वण्टीचेर एक जाण्टो, जाण्टी आनी एक तरणाट्याचो अशे तीन फोटू. तिनूय फोटवांक हार घाल्यात.)

(शिर्शक गीत सोपतां सोपतांच सायरनाचो आवाज. माचयेर काळोख. भायर बोवाळ चलिल्ल्याचो आवाज. सायरनाचो आवाज वाडटा. भायर मोटमोट्यान दारार मारिल्ल्याचो आवाज. वातावरण गंभीर. लिली नायट गावनांत.)

**लिलीः** (भियेत भियेत) कोण, कोण थंय?

(परत दारार मारिल्ल्याचो आवाज.)

**लिलीः** हें पळयात रातची बारा वरां जाल्यात. कोण तें सांगलें बगर हांव दार उगडचें ना.

(बटन दाबून लायट पेटयता.)

**आवाजः** (भायल्यांतल्यान) नाका उगडूं, आमी दार मोडून उडयतां.

(परत दारार धपकें घाल्ल्याचो आवाज.)

**लिलीः** (भियेत) नाका नाका. दार मोडूं नाकात...हांव कितें करूं! कोणाक सांगू? आ..ता मास्तर मास्तर..गुरूल्या काका काका..मुन्नी मुन्नी. शी सगळी न्हिदून पडल्यांत आसतलीं.

**आवाजः** ए छम्मकछल्लो दार उगड बेगीन.(दारार मारता.)

**लिलीः** (निर्धारान) ना. हांव उगडचें नां. नां केन्नाच ना.

(भायर मात्सो बोवाळ. मागीर शांततताय. लिली दारा कडेन वचून अदमास घेता. इतल्यान लायट वता.)

**लिलीः** (काळखात किळच्यो मारता.) आवय!

(परत दारार मोटमोयान आवाज.) बॅटरी बॅटरी खंय (आपटत धपटत बॅटरी सोदता. फोनाच्या मेजांत बॅटरी मेळटा. ती पेटल्यार पेटना ) शी...हिका आनीक पिडा मारल्या आयजूच.

(हातार मारून बॅटरी पेट्टा काय म्हूण पळयता. मात्शी पेट्टा. मदीज फोन वाजता. तें किळांच मारता. फोनाचेर बॅटरी वावडीत) कोण कोण तुमी?

**आवाजः** आमी तुजे शुभचिंतक. दार उगड बेगीन (दारार मारता)

**P.T.O**

Q.3. Translate the following **newspaper report** into English: **(20 marks)**

## बर्या साहित्या खातीर पुस्तक क्लबाची गरज : दामोदर मावजो

बरे साहित्य हेर भाशांनी अणकारीत जातलेच मात, बरे साहित्य खंयचे ते सोदून काडपा खातीर पुस्तक क्लब सुरू करपाची गरज आसा अशें साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाल्ले कोंकणी साहित्यीक दामोदर मावजो हांणी रवींद्र भवन मडगांवां पुस्तक क्लबाच्या उकतावण सुवाळ्यांत उलयताना सांगले.

ह्या वेळार मानाचे सोयरे म्हणून कोंकणी भाशा मंडळाच्यो उपाध्यक्षा रत्नमाला दिवकार तशेंच रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष साईश पाणंदीकर उपस्थीत आशिल्ले.

फुडे उलयताना दामोदर मावजो हांणी साहित्य हे मनशाचे जिणेचो एक भाग जावन आसा. लेखक हो पयली वाचक आसपाची गरज आसा.बर्या साहित्या खातीर लेखकांनी सामान्य लोकांची जीण लागींच्यान पळोवपाक जाय. वाचन संस्कृती बाराबर संवादात्मक कार्यावळी घडोवन हाडून वाचकांक एकठांय हादपाचो यत्न जावपाक जाय अशें सांगले.

ह्या वेळार उलयतना रत्नमाला दिवकार हांणी हो एक बरो उपक्रम अशें सांगलें.

साईश पाणंदीकर हाणी रवींद्र भवनान हाचे पयली सीने क्लब स्थापन केल्लो. आतां पुस्तक क्लब सुरु केला. वाचन संस्कृती वाडोवपाचो हाचे फाटलो हेत आसा अशें सांगलें.

सुत्रसंचालन रॉक्सना सिंग हांणी केले. ह्या वेळार साव्हिया व्हिएगस उपस्थीत आशिल्ले.